गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी-गोंय

पत्रक

# <u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंय क्रांती दिसाची परबीं</u>

ता. 17 जून 2019

27 ज्येष्ठ 1941

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक गोंय क्रांती दिसाची परबीं भेटयल्या. मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, ङ्ग गोंय क्राती दिसाक चड म्हत्व आसा कारण हया दिसा ख-या अर्थान क्रांतीची सुरवात जाली आनी गोंय मुक्ती चळवळ मजबूत जावपाक योग्य दिका मेळ्ळी.

गोंयच्या मुक्ती खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या ज्ञात-अज्ञात स्वातंत्र्य सैनिकांचो उगडास करपाक गोंय क्रांती दिस योग्य प्रसंग जावन आसा.

व्हडा कश्टांनी मेळयिल्ले स्वातंत्र्य तिगोवन दवरून गोंय राज्याची जीणेच्या सगळया मळांचेर उद्रगत करपाक आमी सगळयांनी एकवटान यत्न करूया ! अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

मा/वाप/एनजी/जॉआ/विगा/सुसुका/2019/327